29th June 2026 8.40am

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सेशेल्साच्या 50व्या 'राश्ट्रीय दीस' सुवाळ्याक, मुखेल सोयरे म्हूण वाटेकर जाले. मॉरिशसचे प्रधानमंत्री डॉ. नवीन चंद्र राम गुलाम हाचेकडेन, सेशेल्सांत प्रधानमंत्री मोदी हाणी चर्चा केली.

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लीच्या, राष्ट्रपती भवनांत संरक्षण सन्मान सुवाळ्यात, 2026 वर्साचे शौर्य पुरस्कार भेटयतल्यो.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज उप हिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम वाठारांत घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, रेड अलर्ट जारी केला.

- भारतीय दादल्यांच्या हॉकी पंगडान, पेनल्टी शूटआउटांत इंग्लंडाचेर 3 आड 2 अशी हार घालून एफ.आय.एच हॉकी प्रो लीगात पयले जैत जोडले.

PM New सेशेल्स -

सेशेल्साच्या 50व्या 'राश्ट्रीय दीस' सुवाळ्याक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी मुखेल सोयरे म्हूण वाटेकर जाले. ह्या निमतान आयोजीत केल्ले संचलनात, नौदल आनी लश्करी पगडासंयत, भारतीय पंगडान वांटो घेतलो. भारत आणि सेशेल्स मधल्या इश्टागतीचें प्रतीक म्हणून 'आय.एन.एस तरकश' आनी 'आय.एन.एस इक्षक' हीं तारवां 'पोर्ट व्हिक्टोरिया' हांगा तैनात केल्लीं. मजगती, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल सेशेल्सांत, मॉरिशसचे प्रधानमंत्री डॉ. नवीन चंद्र रामगुलाम हाची भेट घेतली. भारत आनी मॉरिशस हांचे मदीं चालू आशिल्ल्या सहकार्याचेर दोनूय फुडाऱ्यांनी चर्चा केली. तशेंच भारताच्या खाशेल्या अर्थीक पॅकेजीची अंमलबजावणी करपाचे प्रगतीचोय नियाळ घेतलो. भारताच्या 'व्हिजन महासागर' आनी 'शेजार पयली' ह्या धोरणांतल्यान भारत-मॉरिशस मधली, धोरणात्मक भागीदारी हांचेर दोनूय प्रधानमंत्र्यांनी सहमती दर्शयली.

राष्ट्रपती गॅलेंट्री पुरस्कार -

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लीच्या, राष्ट्रपती भवनांत संरक्षण सन्मान सुवाळ्यात, 2026 वर्साचे शौर्य पुरस्कार भेटयतल्यो. संरक्षण दळ, केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळ आनी पुलीस दळाच्या कर्मचाऱ्यांक राष्ट्रपती सांजे 5 वरांचेर गॅलॅन्ट्री पुरस्कार दितल्यो. सशस्त्र दळ, केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळ आनी हेर सुरक्षा कर्मचाऱ्यांनी केल्ल्या अपवादात्मक शौर्याच्या कृत्यांक मान दिवन हे पुरस्कार दितात. जम्मू-काश्मीर, ईशान्य आनी देशाच्या शिमेवयल्या आतंकवाद, बंडखोरी धोक्यां आड, भारताचें चालू आशिल्लें झूज हे पुरस्कार दर्शयतात, तेच बरोबर मानवतावादी मिशनांतल्या, असामान्य धैराच्या कृत्यांक मान्यताय दिता.

सेशल्स पीएम -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीं हांणी काल सेशल्सचे राष्ट्राध्यक्ष डॉ. पॅट्रीक हर्मिनी हांचे वांग़डा द्विपक्षीय चर्चा केली. दोनूय फुडाऱ्यांनीं सहकार्याच्या वेगवेगळ्या पैलूंचो नियाळ घेतलो आनी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी आंतरराष्ट्रीय मुद्द्यांचेर चर्चा केली. ते पयलीं प्रधानमंत्री मोदी हांका 'गार्ड ऑफ ऑनर' दिलो. ह्या वेळार शेती, अर्थिक, अंतराळ आनी भलायकी अशा वेगवेगळ्या मळांवेल्या करारांची, देवाण घेवाण जाली. हे भेटें मजगतीं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांका पर्यावरण संरक्षण आनी सेगीत उदरगतीच्या फुड़ारपणा खातीर, थंयचो उंचेलो नागरिक सन्मान 'गार्डियन ऑफ द ब्लू होरायझन' पुरस्कारान सन्मानित केले. हिंद महासागर हें सगळ्यांचे वांटून घेतिल्ले घर आसा आनी ताचे संरक्षण, शाश्वतता आनी समृद्धी ही सगळ्यांची जबाबदारी आशिल्ल्याचें मत प्रधानमंत्र्यांनी उक्तायलें.

शिवराज सिंग चौहान -

शेती आनी शेतकार कल्याण आनी ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी विकसीत भारत २०४७साची मोख साकार करपा खातीर, गांवांची मुखेल भुमिका आशिल्ल्याचें म्हळां. नवी दिल्लींत राष्ट्रीय ग्रामीण विकास सम्मेलनाक संबोधीत करतना ते उलयताले. विकसीत भारता खाला, राज्यांच्या वांट्या सयत 1 लाख एकावन्न हजार कोटी रुपयां, परस चड तरतूद केल्या. पंचायतींक अदीक घटमूट करपा खातीर आनी गांवगिऱ्या समाजांक सशक्त करपा खातीर पंचायतींक व्हड प्रमाणांत अर्थीक आधार मेळत रावतलो, अशें मंत्री शिवराज सिंग चौहान हाणी सांगलें.

PM  मन की बात -

जून म्हय़न्यांत स्वदेशी सी- 295  विमानाच्या पय़ल्या उड्डानान, भारतान हवाई येरादारी क्षेत्रांत व्हड येस मेळयलां, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीं काल आकाशवाणीवेल्या 'मन की बात' कार्यावळींत म्हळां. अशे तरेचीं चाळीस  विमानां भारतांत तयार करतात, अशी म्हायती प्रधानमंत्र्यांनीं दिली. हे खातीर  एम.एस.एम.ई (MSME) आणि एरोस्पेस मळाक नवी चालना मेळटा आशिल्ल्यान, रोजगाराच्यो संदी वाडटा आनी आत्मनिर्भर भारताचो संकल्प, अधिक घटमूट जाता, अशें प्रधानमंत्र्यांनीं सांगलें.

प्रधानमंत्री मोदी हांणीं आंतरराष्ट्रीय योग दिसा विशीं लेगीत उलोवप केलें. ह्या दिसा  भारताच्या य़त्नांमदीं पुराय़ जग वांटेकार जालें. ह्या दिसा जगभरातल्या अडेज हजरां वयर वेगवेगळ्या वाठारांनीं, योग कार्यावळी आयोजित केल्ल्यो.  भारतांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांतल्यान आयोजित केल्ल्या योग कार्यावळींनीं करोडांनीं लोकांनी सहभाग घेतलो, अशें  प्रधानमंत्री मोदी हांणीँ सांगलें.

चवथ उत्सवा खातीर गणपती बाप्पाची मूर्ती, देशाच्या मातयेंतल्यान तयार जाल्ली आनी थळाव्या कारागिरांच्या हातांतल्यान तयार केल्ली आसा, हाची खात्री करून घेवपाचो उलो, प्रधानमंत्री मोदी हांणी सगळ्या लोकांक मारला. तशेंच  प्लास्टर ऑफ पॅरिसान तयार केल्लीं मूर्तीं कशीच विकती घेवचीं न्हय, अशें प्रधानमंत्र्यांनी मन कि बात कार्यावळीत म्हणलां.

Pakistan कराची  -

कराचीत हालींच घडिल्ले घडणुके संबंदी, पाकिस्तानाचे आरोप भारतान खरपणान न्हयकारले आनी तांकां निराधार अशें म्हणलें. प्रसार माध्यमांनी केल्ल्या प्रस्नांक जाप दितना परराश्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयसवाल हांणी सांगलें कि , पाकिस्तानान हेरांक दोश दिवचे परस आत्मपरीक्षण करचें आनी आपल्या भुयेचेर  आशिल्ल्या आतंकवादी मुळाव्या साधनसुविधां आड, कारवाय करची.

HOCKEY FIH -

काल लंडनांतल्या ली व्हॅली हॉकी आनी टेनिस सेंटरांत जाल्ल्या, एफ.आय.एच हॉकी प्रो लीगांतल्या मॅचींत, भारतीय दादल्यांच्या हॉकी पंगडान पेनल्टी शूटआउटांत इंग्लंडाचेर  3 आड 2 अशी हार घाली. अभिषेक, शिलानंद लकरा आनी हार्दिक सिंग हांणी भारता खातीर केल्ले शूट आउट यत्नांक, खर स्पर्धात्मक मॅचींत रुपांतरीत केले. हॉकी विश्वचषका पयलीं, भारताक एफ.आय.एच हॉकी प्रो लीग मॅचीत जैत मेळिल्ल्यान, पंगडाचो आत्मविश्वास वाडपाक मदत झाली.

फिफा -

अमेरिकेंतल्या लॉस एन्जेल्सांत, दक्षिण आफ्रिकेचेर  1 आड 0 अशी हार घालून, कॅनडान फिफा विश्वचषकाच्या नॉकआउट टप्प्यांत, पयली जैत नोंद केली. दुसरया अर्दांत स्टॉप टाईमाच्या, दुसऱ्या मिण्टांत कॅनडाच्या स्टीफन युस्ता-कियोन गोल केलो.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज उप हिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम वाठारांत घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, रेड अलर्ट जारी केला. फुडल्या दोन ते तीन दिसांत गुजरात, मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, झारखंड, बिहार, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडांतल्या कांय वाठारांनी नैऋत्य पावस आनीक फुडें सरपाक परिस्थिती अनुकूल आसा, अशें हवामान खात्यान सांगलां.

तशेंच ब्रेस्तार मेरेन दर्यादेगेवेलो कर्नाटक, कोंकण, गोंय, लक्षद्वीप, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, तेलंगणा आनी विदर्भ ह्या वाठारांनी व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, फाल्यां मेरेन दिल्ली, बिहार, हरियाणा, चंडीगढ, आनी उत्तर प्रदेशांत उश्णताय ल्हारांची परिस्थिती आसतली, अशे हवामान खात्यानं सांगला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सेशेल्साच्या 50व्या 'राश्ट्रीय दीस' सुवाळ्याक, मुखेल सोयरे म्हूण वाटेकर जाले. मॉरिशसचे प्रधानमंत्री डॉ. नवीन चंद्र राम गुलाम हाचेकडेन, सेशेल्सांत प्रधानमंत्री मोदी हाणी चर्चा केली.

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लीच्या, राष्ट्रपती भवनांत संरक्षण सन्मान सुवाळ्यात, 2026 वर्साचे शौर्य पुरस्कार भेटयतल्यो.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज उप हिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम वाठारांत घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, रेड अलर्ट जारी केला.

- भारतीय दादल्यांच्या हॉकी पंगडान, पेनल्टी शूटआउटांत इंग्लंडाचेर 3 आड 2 अशी हार घालून एफ.आय.एच हॉकी प्रो लीगात पयले जैत जोडले.